# राष्ट्रीय खबरो २६.०३.२०२६ @ ८.४० am

## राष्ट्रीय खबरो.

### मुखेल खबरो

- भारत आणि सर्बियान सर्बियातल्या बेलग्रेड हांगा परराष्ट्र कार्यालयाच्या सल्ला/मसलतीची णववी फेरी आयोजित केली.
- एका प्रतिबंधित दहशतवादी संघटनेच्या आणि ताच्या सदस्यांच्या समर्थनार्थ पाकिस्तानान जारी केले निवेदन भारतान स्पष्टपणान भायरायला
- लोकसभेन अर्थ विधेयक, २०२६ आवाजी मतदानान मंजूर केला.
- केरळ, माहे, कोंकण आनी गोंयांत आयज उश्ण आनी दमट हवामान पातळटलें.
- दक्षिण आशियाई फुटबॉल फेडरेशन SAFF वीस वर्सां सकयल्या वसतादपण सर्तींत भारतीय दादल्यांचो पंगड आयज पाकिस्ताना आड सामको अटीतटीच्या खेळा आपली मोहीम सुरू करतलो

### भारत सर्बिया 140

भारत आणि सर्बियान सर्बियातल्या बेलग्रेड हांगा परराष्ट्र कार्यालयाच्या सल्ला/मसलतीची णववी फेरी आयोजित केली. या परराष्ट्र कार्यालयाच्या

सल्लामसलतीचे अध्यक्षस्थानार परराष्ट्र मंत्रालयाचे सचिव  सिबी जॉर्ज आणि सर्बियाच्या परराष्ट्र मंत्रालयाचे राज्य सचिव, दामजान जोविक आशिल्ले. सचिवांनी सर्बियाचे परराष्ट्र मंत्री, मार्को ड्युरिक हांचीय भेट घेतली. त्यांनी भारत आणि सर्बियामधलो विद्यमान सहकार्य अधिक घटट करपाच्या आणि द्विपक्षीय सहकार्याची व्याप्ती वाडोवपाच्या मार्गांर चर्चा केली. परराष्ट्र मंत्रालयान एका निवेदनात म्हणला  की, दोनुय देशांचे दाट आणि मैत्रीपूर्ण संबंध आसात, जे त्यांच्या लोकांच्या दीर्घकालीन इश्टागतीच्या बंधांर आधारित आसात. या सल्लामसलतीमदी वेपार आणि आर्थिक संबंध, संरक्षण, विज्ञान आणि तंत्रज्ञान, फिनटेक, शेती, संस्कृती आणि लोकांमधले संबंध यांसारख्या परस्पर हिताच्या क्षेत्रांचो आसपाव आशिल्या विद्यमान द्विपक्षीय संबंधांचो सर्वसमावेशक आढावो घेतला. दोनीय वटांनी बहुपक्षीय माचये वेल्या त्यांच्या मजबूत सहकार्याबद्दल समाधान व्यक्त केले. दोनीय वटांनी परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आणि जागतिक मुद्द्यांर विचारांची देवाणघेवाण जाली. या दौऱ्या वेळार, सचिवांनी सर्बियामधल्या भारतीय वंशाच्या सदस्यां कडेय संवाद साधलो.

## पाकिस्तान 100

एका प्रतिबंधित दहशतवादी संघटनेच्या आणि ताच्या सदस्यांच्या समर्थनार्थ पाकिस्तानान जारी केले निवेदन भारतान स्पष्टपणान भायरायला . एका प्रतिबंधित दहशतवादी संघटने कडे संबंधित न्यायालयीन बाबींचेर पाकिस्तानान केल्या वक्तव्याबद्दल माध्यमांच्या प्रश्नांक जाप दितना, परराष्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयस्वाल हाणी भर दिला की, भारताच्या अंतर्गत बाबीचेर वा त्याच्या न्यायालयीन प्रक्रियेर भाष्य करपाचो पाकिस्तानाक

कसलोच  अधिकार ना. जो देश दीर्घकाळापासून दहशतवादाक प्रोत्साहन दिता , त्याने हिंसाचार आणि निष्पाप लोकांच्या हत्येचे समर्थन करपी अशे निवेदन जारी करप हातुंत अजाप ना अशे ताणी म्हणले. फटीच्यो गजाली  आणि अर्थ नाशिल्यो  कथा पसरवपा वाट्याचे पाकिस्तानान आपुण करत आशिल्या गंभीर आणि पद्धतशीर मानवाधिकार उल्लंघनाचेर आत्मपरीक्षण करपाक जाय अशे तांणी म्हळे

गडकरी 130

मुळाव्या सुविधांच्या विकासात कार्यक्षमता, पारदर्शकता आणि आंतर-संस्थात्मक समन्वय वाडोवपाच्या दिशेन एक व्हड पाऊल म्हणून, रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्री नितीन गडकरी यांनी रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांच्या वांगडा नवी दिल्लीत  'रेल्वे-रस्ते तपासणी आणि टप्पे व्यवस्थापन - स्टील गर्डर्स पोर्टल'चे उक्तावण केले. रस्ते येरादारी आणि महामार्ग मंत्रालयान सांगले की, रस्ते मालकी विभाग, भारतीय रेल्वे, कंत्राटदार, फॅब्रिकेटर्स आणि तपासणी संस्था यांसारख्या सगळ्या मुखेल भागधारकांक एकठांय हाडपी एक एकात्मिक डिजिटल माची उपलब्ध करून दिवन आव्हानांक फुड़ो करप, हे या पोर्टलचे उद्दिष्ट आसा. या उपक्रमाक लगुन मंजुरी आणि तपासणीचो कालावधी अंदाजे १२ महिन्यांवेल्यान सुमार ३ ते ४ महिन्यां मेरेन कमी जावपाक मदत जातली आणि प्रकल्पाची कार्यक्षमता, पारदर्शकता आनी उत्तर/दायित्व सुधारतले. रेल्वे ओव्हर ब्रिज आणि रेल्वे पुलांचे वेकार बांधकाम पूराय करप, मुळाव्या

# सुविधांची अंमलबजावणी घटमुट करप आणि देशभरातली जोडणी वाडोवप हातुंत हे पोर्टल महत्त्वपूर्ण भूमिका निभायतले

निर्मला 140

लोकसभेन अर्थ विधेयक, २०२६ आवाजी मतदानान मंजूर केला. या विधेयका वरवी केंद्र सरकारच्या २०२६-२०२७ या आर्थिक वर्सा खातीर आर्थिक प्रस्तावांक  अंमलात हाडपाचो प्रयत्न करतात. सरकारान मांडील्या दुरुस्त्यांक सभाघरान मंजुरी दिल्या. सभागृहात अर्थ विधेयक, २०२६ वेल्या चर्च क जाप दितना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हाणी  म्हणले की, सरकार सूक्ष्म, लघु आणि मध्यम उद्योग (MSMEs), शेतकार आणि सहकारी संस्थांक सक्षम करता, कारण ते रोजगार निर्मिती, उत्पादन आणि देशाच्या सर्वांगीण विकासाच्या केंद्रस्थानार आसात.  **BYTEMSM**

भारताक एक विकसित राष्ट्र करपाक सरकार डिजिटल मुळावी सुविधा, इलेक्ट्रॉनिक्स उत्पादन, दर्या उत्पादना, चामड्याचे उद्योग, महत्त्वपूर्ण खनिजां आणि अणुऊर्जा यांसारख्या प्रमुख क्षेत्रांकुय तेको दिता. ह्यो सुधारणा सक्तीन न्हय तर स्पष्टता, वचनबद्धता आणि आत्मविश्वासान केल्या दृढनिश्चयातल्यान जाता अशे  सीतारामन हांणी म्हणले. प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांच्या फुडारपणाखाला भारत सुधारणांच्या एक्सप्रेसार स्वार जाला. हे वित्त विधेयक मध्यमवर्गाचेर लक्ष केंद्रित करता आणि सरकारान १७ अत्या/वश्यक जीवन/रक्षक वखदावेल्या मूलभूत सीमा शुल्कातल्यान सूट दिल्या अशे ताणी म्हणले **byte**

**ह्यो खबरो तुमी आकाशवाणीच्या पणजी केंद्रवेल्यान आयकतात**

**आता मुखवेलयो खबरो**

'वंदे मातरम' 80

आकाशवाणीन आज सावन आपल्या सकाळच्या प्रसार/णाची सुरुवात राष्ट्रगीत 'वंदे मातरम'च्या पुराय आवृत्तीन केली. हरशी स्वातंत्र्यापासून, आकाशवाणी आपल्या केंद्राचेर सकाळच्या प्रसारणाची सुरुवात त्यांच्या प्रतिष्ठित सिग्नेचर ट्यूनान आणि उपरांत'वंदे मातरम'च्या दोन कडव्यांच्या आवृत्तीन करपाची परंपरा आसा. माहिती आणि प्रसारण मंत्रालयान सांगले की, स कडव्यांच्या राष्ट्रगीतासंदर्भात गृह मंत्रालयाच्या हालीच्या मार्गदर्शक तत्त्वां प्रमाण आकाशवाणीची सगळी केंद्रा आज सावन राष्ट्रगीताची पुराय आवृत्ती प्रसारित करपाक सुरुवात करतली. या पुराय आवृत्तीचो कालावधी ३ मिनिटां १० सेकंद आसा. सुरुवातीक प्रसारित जावपी आवृत्ती प्रसिद्ध हिंदी शास्त्रीय गायक पंडित चंद्रशेखर वझे हांणी राग 'देसात गायली .

Jitendra 20

रेअर-अर्थ परमनंट मॅग्नेट्स ह्या मळार देशांतर्गत उत्पादन क्षमता वाडोवपा खातीर सरकार निर्णायक पावलां उबारता अशें केंद्रीय मंत्री डॉ.जितेंद्र सिंग हाणी म्हणला.. **Byte**

वेदर 90

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन उपहिमालयाच्या अस्तंत बंगाल आनी सिक्किमांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. तशेंच दर्यादेग कर्नाटक, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा आनी ईशान्य राज्यांनी ह्या म्हयन्याचे athavis मेरेन गडगड आनी वीजाचो कडकडाट जावपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. मजगतीं, केरळ, माहे, कोंकण आनी गोंयांत आयज उश्ण आनी दमट हवामान पातळटलें.

स्पोर्ट्स 90

दक्षिण आशियाई फुटबॉल फेडरेशन SAFF वीस वर्सा सकयल्या वसतादपण सर्तीत भारतीय दादल्यांचो पंगड आयज माले हांगा पाकिस्ताना आड सामको अटीतटीच्या खेळान आपली मोहीम सुरू करतलो.पाकिस्तान आनी बांगलादेश हांचे वांगडा ब गटांत सुवात मेळील्ल्या भारताक तीन पंगडांच्या गटांत खूब व्यस्त वेळापत्रक आसा; जंय दरेक गुण निर्णायक थारतलो. शेनवारा दुसरे मॅचींत बांगलादेशआड खेळ जातलो.

गटांत फक्त दोनच खेळ आशिल्ल्यान उपांत्य फेरयेंत सुवात मेळोवपा खातीर एक जैत लेगीत पुरो थारूक शकता. गट बीच्या सुरवातीच्या मॅचींत बांगलादेशान पाकिस्तानाक 2-0 असो हारय ल्यान ही सर्त आनीकय रोमांचक जाल्या. आतां आपल्या 'नॉकआउट' फेरयेत आशा जिती दवरुक पाकिस्तानाक हो डाव जिकप अनिवार्य आसा.

आता खबरो सोपोवचे पयली परत एक फावट काय मुखेल खबरो

- भारत आणि सर्बियान सर्बियातल्या बेलग्रेड हांगा परराष्ट्र कार्यालयाच्या सल्ला/मसलतीची णववी फेरी आयोजित केली.
- एका प्रतिबंधित दहशतवादी संघटनेच्या आणि ताच्या सदस्यांच्या समर्थनार्थ पाकिस्तानान जारी केले निवेदन भारतान स्पष्टपणान भायरायला
- लोकसभेन अर्थ विधेयक, २०२६ आवाजी मतदानान मंजूर केला.
- केरळ, माहे, कोंकण आनी गोंयांत आयज उश्ण आनी दमट हवामान पातळटलें.
- दक्षिण आशियाई फुटबॉल फेडरेशन SAFF वीस वर्सां सकयल्या वसतादपण सर्तीत भारतीय दादल्यांचो पंगड आयज पाकिस्ताना आड सामको अटीतटीच्या खेळा आपली मोहीम सुरू करतलो

आनी इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबर सोपलयो. आकाशवाणी पणजी केंद्राचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकूक मेलटले सांजेच्या स वरा तीस mintancher नमस्कार